सांगे, काणकोण आनी केपे तालुक्यांत सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम

ता. 19 ऑक्टोबर 2026

राज्यांतल्या सांगे, काणकोण आनी केपे तालुक्यांत सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो. 21 ऑक्टोबराक सांगे तालुक्यांत रिवण हांगा सार्वजनीक गणेश मंडळ सभाघर, 22 ऑक्टोबराक काणकोण तालुक्यांत रविंद्र भवन आनी 23 ऑक्टोबराक केपे तालुक्यांत कुडचडे हांगा रविंद्र भवनात सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम जातलो. सकाळी 10.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रमाक उपस्थित रावन लोकांच्यो समस्यां आनी गाराणीं आयकून घेतले. लोंकांनी आपल्यो समस्यां मुख्यमंत्री आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांच्या नदरेक हाडून दिवपा खातीर सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रमाचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/654

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.